आकाशवाणी पणजी

13/12/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज छत्तीसगढांतल्या जगदलपूरांत बस्तर ऑलिंपिक सर्तीच्या समारोप सुवाळ्यांत उलोवप केलें. फुडल्या वर्सा बस्तार ऑलिंपिक जातले तेन्ना फकत छत्तीसगढच न्हय तर पुराय देश नक्सल मुक्त जातलो अशें तांणी सांगलें. फुडल्या पांच वर्सांत बस्तार हो देशांतलो सगळ्यांत विकसीत आदिवासी प्रदेश करपाचो सरकारान संकल्प केला अशें ताणी मुखार सांगलें

2001 वर्सा संसदेचेर जाल्ल्या हल्ल्यांत आपलो जीव व्हगदाव्पी शूर सैनिकांक राष्ट्र आर्गां ओपता. हुतात्म्यांनी दाखयल्ल्या धैर, शौर्य आनी समर्पणाक राष्ट्र नमन करता अशें राष्ट्रपतीनी आपल्या संदेशांत म्हणलां.मजगती धोक्याच्या वेळार त्यांचे धाडस, दक्षता आणि कर्तव्यनिष्ठा तोखणायेची आसा अशें प्रधानमंत्रांनी म्हळा. तशेच उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन लोकसभेंचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी, काँग्रेसीची फुडारी सोनिया गांधी आनी हेर संसद वांग्ड्यानीय हुतात्म्यांक फुलांनी आर्गां ओपल्यात .

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सोमारा सावन जॉर्डन, इथिओपिया आनी ओमान ह्या तीन राश्ट्रांच्या भोंवडेर वतले. जॉर्डनाचो राजा अब्दुल्ला बिन अल हुसेनाच्या आपव्ण्यावेलाय ते जॉर्डनाक भेट दितलो. भारत हो जॉर्डनाचो तिसरो व्हड वेपारी भागीदार आसा.ते 16 ते 18 डिसेंबर मेरेन इथिओपिया आनी उपरांत ओमानाक भेट दितले. ह्या भेटेक लागून सहकार आनीक घटमूट जातलो आनी शांतताय, सुरक्षा आनी उदरगती खातीर सामायिक दृष्टिकोन परतून दृढ जावपाची आस्त आसा.

अनिल चौहान 35बदलत्या वातावरणाक अनुकूल जावपासयात सुसज्ज रावपा खातीर सुदारणांचो आस्पाव करपाक भारतीय संरक्षण दळ बंदील आसा अशें संरक्षण मुखेल जनरल अनिल चौहान हांणी म्हळा. हैदराबादातल्या डंडीगालच्या वायुसेना अकादेमींत 216 व्या तुकडीच्या पासिंग आउट परेडांत ते उलयताले

आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री आनी गोंयचे मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या जयंती निमतान आयज मिरामार आशिल्या तांच्या स्मृती स्थळाचेर खाशेली कार्यावळ जाली. हयावेलार मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्तानी मिरामार आशिल्या तांच्या सामधीचेर पुष्पचक्र अर्पण करून तांका आर्गां ओपली .मनोहर पर्रीकार हे गोंयचे साधन सुविदा तशेचं सर्वागिण उदरगतीचे शिल्पकार आशिल्ले अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. तशेच केंद्रीय मंत्री श्रीपदा नायक हाणी सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांका आर्गा ओपली .

गोयातल्या SIR सर्वेक्षणाउपरांत आता 1 लाख 78हजार मतदारांची नांवां मतदान वळेरेतल्यान रद्द केल्यातआनी मतदार वळेरीखातरी 10पूज्य 84 लाख मतदारांचे अर्ज एकठाय केल्यात अशी म्हायती मुखेल वेंचणुक अधिकारी संजय गोयल हंणी आयज घेतिल्लया पत्रकार पीरशदेवेळार दिली. जाल्यार 1 लाख 78 मतदार स्थलांतरीत, मरण आयिल्ले ,गैरहजर, वा बोगस आशिल्लयाचे फांटभुयेंर मतदार वळेरीत आसपाव करुंक मेळुंक ना. SIRप्रमाण नव्या मतदार वळेरीचो मसुदो 16 डिसेंबराक उक्तो करतले. ह्या वळेरीत जर काय सुधारणा करपाक जाय जाल्यार दोन म्हयन्याचो वेळ दवरला, जांची नावा कायं तंत्रिक कारणांखातीर रद्द जाल्यात तांका नांव मतदार वळेरीत घालपाक प्रक्रिया करपाक ह्या दोन म्हयन्यात मेळटले. 14 फेब्रुवारीक निमणी मतदार वळेरी उजवाडायतले अशी म्हायती संजय गोयल हांणी दिल्या.राज्यात एकुंण 1731 मदतार केंद्र आसता तशेंच 1.82 लाख मतदारांचे मॅपिंग प्रलंबित अशील्याच तांणी म्हणला.

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन कर्नाटक छत्तीसगड, विदर्भा आनी ओडिशात शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला. तशेच फुडले दोन दीस पंजाब, उत्तर प्रदेश हिमाचल प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांनी दाट धुकें पातळपाचो अदमास खात्यान उक्तायला .मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारात हवेचो दर्जो सामको वाईट श्रेणीत आसा. इतले मजगती हवेचो दर्जो इबाडत आशिल्ल्यान हवेचो दर्जो वेवस्थापन आयोगान ग्रेडेड रिस्पॉन्स ऍक्शन प्लॅनाचो (जीआरएपी) तिसरो टप्पो रोखडोच प्रभावीपणान लागू केला.

भारतीय कुस्तीपटू विनेश फोगाटान स्पर्धात्मक कुस्तींत परतून येवपाची घोशणा केल्या आनी चवथे खेपे ऑलिंपिक खेळांत वांटो घेवपाचो हेत दवरला.